आकाशवाणी पणजी

**21.03.2025 @ 6.30 pm**

शाहा

गृहमंत्री अमित शाहा हाणी आयज नरेंद्र मोदी सरकाराचे आतंकवादा बद्दल शून्य-सहिष्णुता धोरण आशील्याचेर भर दिलो. एनडीए सरकाराच्या काळांत जम्मू-काश्मीरांत आतंकवादाक लागून मरण येवपाचें प्रमाण 70 टक्क्यांनी उणें जालां आनी आतंकवादी घडणुकांनी व्हड प्रमाणांत उणाव आयला अशें तांणी नदरेक हाडलें. राज्यसभेंत गृह मंत्रालयाच्या कामकाजावेल्या जाल्ले चर्चेक जाप दितना शाहा हाणी सांगलें, की फाटल्या धा वर्सांत सरकारान राजकी इत्सा आनी तंत्रगिन्यानाचो वापर करून देशाची सुरक्षा घटमूट केल्या.

कलम 370 रद्द करून मोदी सरकारान संविधान तयार करप्यांचें 'एक संविधान, एक ध्वज' हें सपन पुराय केलें अशें शाहा हाणी नदरेक हाडलें. आदल्या काळांत आतंकवादी हल्ल्या उपरांत कसलीच कारवाय जावंक नाशिल्ली आनी लोक तें विसरताले अशें गृहमंत्र्यान भर दिलो. उरी आनी पुलवामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत धा दिसां भितर भारतान पाकिस्तानाचेर सर्जिकल स्ट्राईक आनी हवाई हल्लो केलो हाचेर तांणी भर दिलो.

राजेश कुमार

दहशतवाद हो गतिमान आसा जो विकसित जायत सीमो हुपुन  आव्हाना वाढयता अशे संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंह हाणी काल नवी दिल्लीत जाल्या १४ व्या आसियान संरक्षण मंत्र्यांच्या दहशतवाद विरोधी बसके वेळार  सांगले. त्यांनी २०२२ त संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा परिषदेच्या दहशतवादविरोधी समितीच्या भारताच्या अध्यक्षतेखाला दिल्ली घोषणापत्र स्वीकारपा सयत या प्रदेशात दहशतवादाचो फुडो करपाक भारताच्या प्रयत्नांचेर अधिक उजवाड घालो. या दोन दिसांच्या कार्यावळीत आसियान सचिवालय, आसियान देश आणि एडीएमएम-प्लस सदस्य देशांचे प्रतिनिधीमंडळ सहभागी जाल्ले जातुन भारत आणि मलेशिया सह-अध्यक्ष आशिल्ले. बसकेत, दहशतवाद आणि अतिरेकीवादाच्या वाढत्या धोक्याचो फुडौ करपाक एक मजबूत आणि व्यापक रणनीती विकसित करपाचेर लक्ष केंद्रित करपी चर्चा जाली. दहशतवादविरोधी ईडब्ल्यूजी खातीर टेबल-टॉप सराव फुडल्या वर्सा मलेशियात आणि २०२७ त भारतात फील्ड ट्रेनिंग सराव आयोजित करपाची घोषणा केल्या

मोदी

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज भारतान एक अब्ज टन कोळसो उत्पादनाचो पावंडो  हुपील्याचे कौतुक केले. सोशल मीडिया पोस्टात मोदींनी हाका एक उल्लेखनीय यश म्हळा आणि ते ऊर्जा सुरक्षा, आर्थिक वाढ आणि स्वावलंबना दीकेन भारताच्या वचनबद्धतेर उजवाड घालता

अशे म्हळा.  ही कामगिरी या क्षेत्राकडे संबंधित सगळ्यांच्या समर्पण आणि कठोर परिश्रमाचे प्रतिबिंब लेगीत दर्शयता.

ताचे आदी केंद्रीय कोळसो आणि खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी अधोरेखित केले की अत्याधुनिक तंत्रज्ञान आणि कार्यक्षम पद्धतींवर लागुन भारतान फक्त उत्पादनच वाढोवंक ना  तर शाश्वत आणि जबाबदार खणकाम लेगीत सुनिश्चित केला आहे. ही कामगिरी देशाच्या वाढत्या वीज मागणीक , आर्थिक विकासाक चालना दितली आणि नागरिकांक उज्ज्वल फुडार सुनिश्चित करतली.

अनुप्रिया

सरकारन म्हळा की भारत या वर्सा क्षयरोग मुक्त राष्ट्र जावपाक वेगान वाटचाल करता. देशात क्षयरोगाची लागण दर २०१५ त  प्रति लाख लोकसंख्ये फाटल्यान  दोनशे सादतीस आशिल्लो, तो २०२३ त प्रति लाख लोकसंख्ये फाटल्यान. १७.७ टक्क्यांनी कमी  जावन एकशे पंचाण्णव जाला , जो जागतिक घटापेक्षा दुप्पट आसा. लोकसभेत प्रश्नोत्तराच्या तासात पुरवणी प्रश्नांक जाप दीतना भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी म्हणले की, २०१५ च्या तुलनेत २०२३ त क्षयरोगाक लागून जावपी मरणात २१ टक्क्यांहून अधिक घट जाल्या.  सरकारच्या सातत्यपूर्ण प्रयत्नांन देशात क्षयरोग उपचारांची व्याप्ती ३२ टक्क्यांपर्यंत वाढयल्या. मंत्र्यांन सांगले की, क्षयरोगाच्या दुयेतींक सोदपाक सरकारान ३३ राज्या आणि केंद्रशासित प्रदेशांतल्या  तीनशे सत्तेचाळीस प्राधान्य जिल्ह्यांत १०० दिसांची क्षयरोग निर्मूलन मोहीम सुरू केल्या.

जितेंद्र

केंद्रीय विज्ञान आणि तंत्रज्ञान राज्यमंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हांणी आज अधोरेखित केले की भारतात सुमार १०,००० बायोटेक्नॉलॉजी स्टार्टअप्स आसात, जे अंदाजे एकशे पासश्ट जैव अर्थव्यवस्थेत योगदान दीतात. १३ व्या बायोटेक्नॉलॉजी इंडस्ट्री रिसर्च असिस्टन्स कौन्सिल (BIRAC) च्या स्थापना दिसा उलतताना डॉ. सिंह हांणी नमूद केले की अवकाश आणि जैवतंत्रज्ञानातल्या उल्लेखनीय प्रगती खातीर भारताक जागतिक स्तरावर मान्यता मेळता

मंत्र्यांनी इंडिया बायोइकॉनॉमी रिपोर्ट २०२५ आणि बायोटेक स्टार्टअप्सा खातीर जागतिक मार्गदर्शनाक एक उपक्रम बायो-सारथी हाचेयअनावरण केले. इंडिया बायोइकॉनॉमी रिपोर्ट हो  वार्षिक प्रकाशन आसा जो भारताच्या जैव अर्थव्यवस्थेच्या वाढीचो आणि कामगिरीचो नियाळ घेता ताचो आकार, रचना आणि प्रमुख ट्रेंड मॅप करता आणि धोरण आणि गुंतवणूक निर्णयांक अंतर्दृष्टी प्रदान करता. या वेळार, मंत्र्यांनी BIRAC च त्याच्या १३ व्या वर्धापन दिनानिमित्त शुभेच्छा दीली

नमस्कार